14th February 2026 7.25am

आकाशवाणी पणजीच्या, प्रादेशिक खबरा

रश्मी गणेश - 100

वेंचणूक लागीं पावतकच विरोधी पक्ष परत परत दाबोळी विमानतळाचो प्रस्न मांडटा, अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. दक्षिण गोंयचो खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडीस हे 'बेजबाबदार' वक्तव्या करून, राजकीय प्रसाध्दीखातीर हे करता. दाबोळी विमानतळ बंद जावचो ना, अशें काल मुखेलमंत्र्यान परत एकदा स्पश्ट केला. 450 कोटी रूपया खर्च करून, उड्डाण पुल बांधपाचे काम चालू आसा. नागरी विमानन मंत्रालयान फाटल्या 5 वर्सांत 400 कोटी खर्च करून, हो विमानतळ फकत, नौदळाक दिवंपाक हो खर्च करूंक ना. तशेंच मोपा विमानतळ सूरू करच्या पयली, दाबोळी विमानतळ नागरी सेवेखातीर कार्यरत उरतलो, असो निर्णय जाला. ताका लागुन गोंयचे दोनूय विमानतळ चालूच उरतले, अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

Smart city – 90

Smart city प्रकल्पावरवी पणजे शारांत, 18 सुवातीचेंर ev charging station लायल्यात. ह्या मशीनांचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शुक्रारा उक्तावण केले. हाका लागुन पणजेत जावपी सुमार 35 टन कार्बन emersion कमी जाला. पणजे शारात अशी 30 मशीना बसयतले, अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. हांतुल्यान येवपी येनावळ स्मार्ट सिटी प्रकल्पाच्या कामाखातीर उपेगात हाडटले, अशी म्हायती ह्यावेळार मुखूलमंत्र्यान दील्या. स्मार्ट सीटी प्रकल्पावरवी काल पणजे शाराच्या विंगड वांगड कामाचो शुभारंभ जालो. ह्यावेळार पणजेचे आमदार तशेंच महसुल मंत्रीबाबुश मोन्सेरात, पणजी म्हापालीकेचू मेयर रोहीत मोन्सेरात, smart city प्रकल्पाचे मुख्य अधिकारी संदीप जेकीस हाजीर आशील्ले.

रश्मी - 120

आयज सावन पणजीत कार्निवल उत्सव सुरु जाता. काल पर्वरी कार्निवलची सुरवात, मिरवणुकीतल्यान पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हाणी केली. हो कार्नावल सुरवेक जसो सुरु केल्लो, तसोच पर्यावरण पुरक करपाक, पर्यटन खाते महत्व दिता, अशे पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हांणी ह्यावेळरा उलयतना सागंला.

(Byte- Rohan Khaunte)

कार्नवाल हो खुशालभरीत खीण दिवपी महोत्सव, तो सघल्यांनी उमेदिन मनवचो, अशे अंदु वर्साचो किंग मोमो सेड्रिक दा कोस्ता हाणी सांगले.

(Byte – KING MoMo)

रश्मी गणेश - 60

केंद्रीय अर्थसंकल्प आनी राज्य अर्थसंकल्पाची तयारेच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, पर्वरे मंत्रालयात काल वेगवेगळ्या खात्याच्या विभाग मुखेल्यांवांगडा बसका घेवन, खात्याच्या कामकाजाचो नियाळ घेतलो. वेगवेगळ्या खात्यांचें समन्वय आनी कार्यपद्दत सुनिश्चीत करपाचो हेत आशिल्ल्यान, आंतरविभागीय प्रस्न सोडोवपा खातीर सचीवांची नेमणूक केला ,अशी म्हायती ह्या बसके उपरांत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पत्रकारांक दील्या.

Rashmi – 60

गोंयांत नोंद आशिल्ले डीपी आयटी स्टार्टअप मदले, 50 टक्के स्टार्टअप हे बायलांनी सुरू केल्यात,अशी म्हायती, म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या. तशेंच बेगीनुच गोवा ऑनलायन एआय चॅटबोट आनी हायब्रीड आयटी पार्क चालीक लायतले, अशी म्हायती तांणी दील्या. पणजे म्हायती तंत्रज्ञान खात्यान स्टार्टअप

धोरणाखाला 'गोवा स्टार्ट अप एक्सलरेटर' हो उपक्रम सुरू केला. ह्या उपक्रमाच्या उक्तावणा वेळार ते उलयताले.

सुभाष - 60

प्रजापिता ब्रह्मकुमारी ईश्वरीय विश्वविद्यालयान 'मेरा भारत नशा मुक्त भारत' ह्या विशयाचेर आयजच्यान २१ फेब्रुवारी मेरेन, अशे सात दिस अभ्यास सत्रांचे आयोजन केला. हरवळे - सांखळे वाठारांत आयोजित केल्ल्या, ह्या मार्गदर्शन सत्रांनी राज्यातल्या शाळांनी खास करून विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे, अशे आवाहन केलां.

स्पोर्ट्स - 40

अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघान आय लीग फुटबॉल सरतीचे नामांतर केला. २०२५-२६ मोसमा पासून, इंडिअन फुटबॉल लीग अशे नाव जातले. इंडिअन सुपर लीग म्हल्यार आय. एस. एल फुटबॉल सरतीत, फकत १४ पगडच खेळतले, असो निर्णय अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघाच्या कार्यकारी समितीन घेतला.

वेदर - 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, चडान चड तापमान ३३.६ अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान १९.२ अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार